# मुख्यमंत्र्यान पत्रादेवी ते वेर्णा मेरेनच्या एनएच-17 महामार्गाच्या कामाचो आढावो घेतलो

ता. 31 डिसेंबर 2019

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज रस्तो येरादारी आनी महामार्ग मंत्रालय आनी भौशीक बांदकाम खात्याचे अधिकारी आनी बांदकाम कंपनीच्या अधिकाऱ्यांवांगडा बसका घेवन पत्रादेवी ते वेर्णा मेरेनच्या राष्ट्रीय महामार्ग-17 च्या बांदकामाचो नियाळ घेतलो.

आल्तिनार सरकारी बंगल्यार जाल्ल्या बसकेक भौशीक बांदकाम मंत्री श्री. दीपक पावसकर, पर्यटन मंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, भौशीक बांदकाम खात्याचे प्रधान मुख्य अभियंते श्री. यु. पी. पार्सेकर आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले.

मुख्यमंत्र्यान अधिकारी आनी कॉन्ट्रॅक्टराक नव्या जुवारी पुलाच्या बांदकामासयत महामार्गाच्या बांदकामाक गती दिवन डिसेंबर 2020 मेरेन काम पुर्ण करपाचो निर्देश दिलो. तशेंच जमीन संपादनाचो प्रस्न जानेवारी 2020 मेरेन सोडोवपाक सांगले, जेणे करून एनएच-17 च्या बांदकामाक गती मेळटली.

पत्रादेवी ते वेर्णा महामार्गाचे बांदकाम पत्रादेवी ते कारासवाडा, कारासवाडा ते बांबोळी आनी बांबोळी ते वेर्णा अशा तीन टप्प्यांत चलता.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/819